PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S

VIDYA PRABODHINI COLLEGE OF COMMERCE, EDUCATION, COMPUTER AND MANAGEMENT, VIDYANAGAR, PARVARI, GOA.

**S.Y.B.A.B.Ed. SEMESTER END EXAMINATION**

**OCT-NOV/MAY-JUNE 2018-19 (REGULAR / REPEAT / SPECIAL REPEAT)**

**SUB: KONKANI (ELECTIVE) POETRY AS A LITERARY FORM**

**SEMESTER: III** **DURATION: 02 HOURS** **MAX. MARKS: 70 MARKS**

*************************************************************************************

सुचोवण्यो: 1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.

3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

---

प्र 1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(2x6=12)**

1. कोंकणी कवितेच्या इतिहासार उडटी नजर मारात.
2. कवितेच्या घटकांची वळेरी दिवन खंयच्याय दोन घटकांचेर खोलायेन बरयात.
3. कवितेचे खंयचेय दोन प्रकार कोंकणी देखी दिवन स्पश्ट करात.

**प्र.2.**सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(3x4=12)**

1. 'वादळमोडां' ह्या कवितेंत कवी मनशाच्या खंयच्या स्वभावाचेर बडी मारता?
2. 'काळखाचें झाड' ह्या कवितेंत प्रतिकात्मकतेचो वापर जाला. विधानाचेर भासाभास करात.
3. 'एक तांतायाचो प्रवास' ह्या कवितेंतलो तांतयाचो प्रवास तुमच्या उतरांनी बरयात.
4. 'ही माती' ह्या कवितेंत कवी कसलो विचार मांडटा?

प्र 3. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन वळींचें** संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(3x4=12)**

1. "राशिनी उबंतर पडिल्ल्या
भांगिल्ल्या सपनांचो
दोर गुंथून
हांवें म्हाकाच फाशीर चडयला.."

2. "धन्य हांव मेल्लो कावळो
जो कावळो म्हण जल्मलो"

3. "जें जें तुवें केलां इरेज
तितलेंय परतून फीड कर."

4. "केन्नाय भूक ब-याक पडटा
गरीबाच्या कश्टाचो
चुरको घेवूंक!"

प्र.4.सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. **(3x4=12)**

1. 'काव्यफुलां ह्या कविता झेल्यांत सामाजीक प्रस्नांचेर बडी मारल्या. देखी सयत स्पश्ट करात.
2. 'काव्यफुलां ह्या कविता झेल्यांत आधुनीक काळांत मनशाक जावपी त्रास मांडल्यात. भासाभास करात.
3. 'काव्यफुलां ह्या कविता झेल्यांत मोगाच्या कवितांनी विरहाची झालर दिसता. चर्चा करात.
4. 'यो दिसा भर पोटा' ह्या कवितेंतल्यान कवी मनशाच्या कसल्या स्वभावाचेर बडी ओडटा?

प्र.5. अ) सकयल दिल्ल्या कोंकणी उताऱ्याचो **इंग्लिशींत** अणकार करात. **(1x6=06)**

माणकुलें एक-दोन वर्सांचें भुरगें फक्त आवय-बापायचें तोंड वळखता. ताका बाकीचीं तोंडां घातकी दिसतात, असुरक्षीत दिसतात. माणकुल्यांचें हें मानसशास्त्र समजून घेवपाक जाय. भुरगें दोन-चार वर्सांचें जालें म्हणटकच तें आपणाल्या शरिराची खूब काळजी घेता. मात्सो खंय घायबी जालो जाल्यार ताचें मोटें भांडवल करता. ताका आवय-बापायची सहानुभुती जाय आसता.

**ब)** सकयल दिल्ल्या इंग्लिश उताऱ्याचो **कोंकणीत** अणकार करात. **(1x6=06)**

When I was doing my Masters in history at the University of Oxford, UK, the war in Iraq and Afghanistan broke out. Students all over the world, including me, protested. But nothing changed really. It was then that I realized that to change people's world view, you need to change the education that shapes it in the first place.

प्र 6. **अ)** शुध्दलेखनाचे नेमाप्रमाण **उतारो शुध्द करून बरयात.** **(1x5=05)**

घरा बसुन जे अणबव येतात ताचे परस प्रवासातलो अणभव सामकें वेगळे. ते नधरेन रेलवेचो प्रवस चंढ अणभवसंपन्न मणपाक जाय.

**ब)** सकयल दिल्लीं उतरां **शुध्दलेखनाचे नेमा प्रमाण शुध्द** करून बरयात. **(5x1=05)**

1.चुकीचि 2. घरानि 3.बर्याचि 4. सागांति 5. घरीभ

**************************************************************************